## गोंयची मांड संस्कृती सांबाळपा खातीर मांड पंगडांची नोंदणी

ता. 10 फेब्रुवारी 2026

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान "गोंयच्या मांड संस्कृतीचें पुनर्जीवन, सांबाळ आनी संरक्षणा खातीर सरकारी येवजण" ह्या येवजणे खाला राज्यभरांतल्या मांड पंगडांची नोंदणी करपा खातीर अर्ज मागयल्यात. गोंयच्या पारंपरीक मांड पंगडांची प्रमाणबद्द नोंदणी करून गोंयच्या पुरातन सांस्कृतीक दायजाचो सांबाळ करपाक आदार करप हो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा.

मांड परंपरा ही गोंयचें अनेक गांव आनी समाजांच्या संस्कृतीचो भाग आसा आनी ती देवळां, गांवचो मैदान आनी समाजाच्या हेर जाग्यांचेर सादर करपात येता. लोककला, संगीत, विधी प्रकार आनी सादरीकरणातल्यान अनेक पिळग्यांसावन ही परंपरा चलत आयिल्ली आसा. ह्या परंपरेचो सांबाळ जावचो हे खातीर सरकारान मांड पंगडांची नोंदणी करपाचो निर्णय घेतला.

मांड गुरू/मांडेली, पंगडांचे वांगडी आनी प्रशिक्षणार्थी, मांड परंपरेची विशेश कला सादरीकरण आनी समाजात चलत आयिल्ल्या दायजाचो इतिहास अशां म्हायतीची तपशीलवार नोंद जातली. अर्जा वांगडा परंपरा आनी समाज आदारीत मांड पद्दतीच्या प्रकाराची म्हायती आनी ज्येश्ट कलाकार वा समाजाच्या वयस्क व्यक्तिची मान्यताय आसपाक जाय.

सरकारान मांड संस्कृतीचेर स्थापन केल्ली समिती अर्जांची छाननी करून येवजणेच्या नेमा प्रमाण अर्जांची पात्रताय थारायतली. हे येवजणे खाला पारंपरीक वाद्यांची देखभाल, दुरूस्ती, नवीन लोकवाद्यांची खरेदी, मुस्तायकी, मांड दुरूस्ती आनी देखभाल, मांडगुरू आनी विद्यार्थांक प्रशिक्षण अशां कारणां खातीर अर्थीक मजत दितले. अशी अर्थीक मजत फकत देवस्थान समिती, गांव समिती, मान्यताय आशिल्लो गांव/मांड पंगड वा संस्थेच्या नांवान आशिल्ल्या बँक खात्यात जमा करतले.

विहित नमुन्यातले अर्ज 10 फेब्रुवारी 2026 सावन कला आनी संस्कृती संचालनालयात उपलब्ध आसतले. इत्सुक मांड पंगडांनी पुराय भरिल्ले आपले अर्ज 20 फेब्रुवारी मेरेन कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा सादर करपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/116

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.